**<u>संवसारीक कुशळटाय दीस मनयलो</u>**

**<u>उद्देगांच्या सहकार्याक लागून कुशळटाय वाडपाक मदत जातली- मुख्यमंत्री</u>**

ता. 15 जुलय 2021

कुशळटाय वाडोवपाखातीर सरकाराक वेगळ्यां वेगळ्यां कंपन्यांकडल्यान मेळपी सहकार्याक लागून राज्यांत तांत्रिकीं शिक्षणाच्या वाडिक उर्बा मेळटली, अशें मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज तांत्रिकीं शिक्षण संचालनालयांन पर्वरे संवसारीक युवा कुशळटाय दिसानिमतान आयोजीत कार्यक्रमात उलयताना सांगले.

केंद्र सरकारान कुशळ भारत कार्यक्रमाखाला तीन प्रधानमंत्री कुशळटाय येवजणांची अंमलबजावणी केल्या आनी देशातल्या 40 कोटी लोकांक कुशळ करपाचे उद्दिश्ट निश्चित केला. सरकारान गोंयांत रोबोटीक आनी कोडिंग शिक्षण सूरू करपाक पावल उबारिल्ले आसून हे फुडाराचे व्हिजन आसा. आयज कुशळ मनीसबळाची गरज आसून सरकारान आपल्या विंगड विंगड संस्थांतल्यान कुशळटाय वाडोवपाक सुरूवात केल्या अशें सांगून मुख्यमंत्र्यान श्री. सुभाष शिरोडकर हांणी आपल्या संस्थेतल्यान तांत्रिक शिक्षणाक प्रोत्साहन दिल्ले खातीर तांचे अभिनंदन केले.

राज्यांत तांत्रिक शिक्षणाक प्रोत्साहन दिवन कुशळटाय वाडोवपाखातीर सरकारान अर्थिक तजवीज केल्ल्याचेय मुख्यमंत्र्यान सांगले.

भारतीय तांत्रीकीं शिक्षण मंडळाचे अध्यक्ष श्री. अनिल सहस्त्रबुध्दे हांणी आपल्या बीजभाशणात राज्यांत तांत्रिकीं शिक्षणाक प्रोत्साहन दिवपाखातीर मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या फुडारपणाखालच्या सरकारान केल्ल्या प्रयत्नांची तोखणाय केली. आयज संवसारात कुशळटायेच्या बाबतीत दक्षीण कोरिया फुडें आसा. थंयची ९० टक्के लोकसंख्या कुशळ आसा. आमी तांत्रिकीं शिक्षणाबाबतीत समाजात जागरूकताय करपाची गरज आसा आनी त्या खातीर शिक्षण संस्थांची भुमिका म्हत्वाची आसा. आमच्या युवकांक कुशळ करपाखातीर केंद्र सरकारान कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय मंत्रालय निर्माण केला. मॅकनिकल, एरोनॉटिकल, फार्मास्युटिकल आनी हेर उद्देगांखातीर कुशळटाय जाय आसता. आमी तांत्रिकीं शिक्षणाक प्रोत्साहन दिवपाखातीर नवीन उपक्रम सूरू करपाक जाय, असें तांणी सांगले.

रायेश्वर अभियांत्रिकी म्हाविद्यालयाचे अध्यक्ष आनी आमदार श्री. सुभाष शिरोडकर हांणी सरकार राज्यांत तांत्रिकीं शिक्षणाक प्रोत्साहन दिता

म्हणपाचे सांगून गौयांतल्या शिक्षण संस्थांतल्यान गौयच्या विद्‌याथ्यांक तांत्रिकीं शिक्षणाची दारां उकती जाल्ल्याचे सांगले. विकासाखातीर तांत्रिकीं शिक्षण म्हत्वाचे आसून ते सगळ्यां विद्‌याथ्यांमेरेन पावपाची गरज आसा, अशेंय तांणी सांगले.

ह्या वेळार वेगवेगळ्या उद्देगांनी निवड जाल्ल्या अभियांत्रिकीच्या विद्‌याथ्यांक नियुक्ती पत्रां भेटयली. तशेंच मुख्यमंत्री उद्वेजकताय येवजणेखाला नामनेच्या उद्देगांकडेन समजीकाय करार जालो.

ह्या वेळार आयटीआय इन्स्ट्रक्टर नारायण साळगांवकर (इलेक्ट्रिशन ट्रेड), विनोद साटकळकर ( फिटर ट्रेड), लिना परब (संगणक ऑपरेशन), शंभुराव हरमलकर (स्टेनोग्रआफी) आनी प्रेमानंद नाईक हांका पुरस्कांर भेटयले.

तांत्रिकीं शिक्षण संचालक श्री. विवेक कामत, कुशळटाय विकास संचालनालयाचे संचालक श्री. दिपक देसाय, जीएसएलचे वेवस्थापक (मनीसबळ) श्री. मनोरंजन खुंटिया, हेर कंपन्यांचे आनी शिक्षण संस्थांचे प्रतिनिधीं कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

श्री. गोविंद भगत आनी पल्लवी सामंत हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी निमाणे गौंय मनीसबळ विकास म्हामंडळाचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. नारायण नावती हांणी उपकाराचे उलवप केले. म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/596

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji